30.07. 2026 सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

राष्ट्रीय खबरो दिता

मुखेल खबरो

लोकसभेन 'भौशिक परीक्षा (अयोग्य मार्गांचो प्रतिबंध) सुधारणा विधेयक, २०२६' मंजूर केले. हे विधेयक 'भौशिक परीक्षा (अयोग्य मार्गांचो प्रतिबंध) कायदो, २०२४' त सुधारणा करपाच्या उद्देशान हाडला.

राज्यसभेन 'राष्ट्रीय सन्मानाचो अवमान प्रतिबंध (सुधारणा) विधेयक, २०२६', संमत केलां.

भारताची निर्यात पर्यावरण यंत्रणा आनीक घटमूट करपाच्या उपायांचेर नियाळ घेवपा खातीर वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी नवी दिल्लींत निर्यात प्रसार मंडळां आनी उद्देगीक संघटनां कडे बसका घेतली.

दरभंगा जिल्ह्यांतल्या रायम आनी मधुबनी जिल्ह्यांतल्या सकरी हांगा बंद आशिल्ले साकर कारखाने सुरू करपाचो निर्णय बिहार सरकारान घेतला.

राष्ट्रकुल खेळांत भारतान पॅरा-एथलेटिक्सांत इतिहास रचलो. दादल्यांच्या 100 मीटर टी47 प्रकाराच्या निमणया सरतित दिलीप महाडू गाविटान भांगरा पदक आनी मोहम्मद बेसिल मोर्सिंगनाकाथ हाणे रुप्या पदक जिखून भारता खातीर इतिहासीक ‘वन-टू’ (पयलो आनी दुसरो क्रमांक) मेळयलो.

लोकसभेन 'भौशिक परीक्षा (अयोग्य मार्गांचो प्रतिबंध) सुधारणा विधेयक, २०२६' मंजूर केले. हे विधेयक ' भौशिक परीक्षा (अयोग्य मार्गांचो प्रतिबंध) कायदो, २०२४' त सुधारणा करपाच्या उद्देशान हाडला. या कायद्यात खुपशा महत्त्वपूर्ण तरतुदींचो आसपाव आसा; जातुंत धा वर्सा मेरेन बंदखण, धा कोटी रुपया मेरेन दंड आणि दोषी थारील्या गुन्यावकारांची मालमत्ता जप्त करप यांसारकी कठोर ख्यास्त आसपावता. खटल्यांचो जलद निपटारा सुनिश्चित करपाक, प्रत्येक राज्य सरकार आणि केंद्रशासित प्रदेश प्रशासनान दैनंदिन सुनावणी खातीर विशेष 'फास्ट ट्रॅक' न्यायालयां स्थापन करप या कायद्याप्रमाण अनिवार्य केला. विधेयकाचेर जाल्ले चर्चेक जाप दितना डॉ. जितेंद्र सिंह हांणी सांगलें, कायदो खर करपा खातीर आनी पेपर फुटीच्या प्रकरणांत बेगोबेग न्याय मेळचो हे खातीर विधेयकांत दुरुस्ती केल्या.

राज्यसभेन 'राष्ट्रीय सन्मानाचो अवमान प्रतिबंध (सुधारणा) विधेयक, २०२६', संमत केलां. ह्या विधेयकांत ‘राष्ट्रीय सन्मान अपमान प्रतिबंध कायदो, १९७१’ हातूंत आनीक दुरुस्ती जातली. ‘जनगण मन’ ह्या राष्ट्रगीता प्रमाण ‘वंदे मातरम’ हाका कायदेशीर संरक्षण दिवपाचो हेत प्रस्तावीत कायद्याचो आसा. ह्या गुन्यांवांक तीन वर्सां मेरेन बंदखण, दंड वा दोनूय अशी ख्यास्त दिवंक मेळटा. हें विधेयक संमत जाले उपरांत वयल्या सभाघराची कार्यवाही सकाळीं 11 मेरेन स्थगीत दवरली.

भारताची निर्यात पर्यावरण यंत्रणा आनीक घटमूट करपाच्या उपायांचेर नियाळ घेवपा खातीर वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी नवी दिल्लींत निर्यात प्रसार मंडळां आनी उद्देगीक संघटनां कडे बसका घेतली. देशाची जागतीक स्पर्धात्मकता वाडोवपा विशीं चर्चा जाले उपरांत ही बसका आपयल्या अशें गोयल हाणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलां. हे बसकेंत भारताची अर्थीक वाड वाडोवपा खातीर आनी ‘विकसीत भारत’ चें सपन साकार करपा खातीर चड घटमूट, स्पर्धात्मक आनी फुडाराक पूरक निर्यात पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाच्या सरकाराच्या बान्दीलकायेचो पुनरुच्चार केलो

दरभंगा जिल्ह्यांतल्या रायम आनी मधुबनी जिल्ह्यांतल्या सकरी हांगा बंद आशिल्ले साकर कारखाने सुरू करपाचो निर्णय बिहार सरकारान घेतला. हे संबंदी प्रस्तावाक काल उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी हांच्या अध्यक्षते खाला जाल्ले मंत्रीमंडळ बसकेंत मान्यताय मेळ्ळी. प्रसारमाध्यमांक म्हायती दितना अतिरिक्त मुखेल सचीव अरविंद कुमार चौधरी हांणी ‘बिहार खेळां धोरण-2026’क मंत्रीमंडळानय मान्यताय दिल्या अशें सांगलें. तशेंच हे बसकेंत 2026-27 वित्तीय वर्सा खातीर ‘प्रधानमंत्री कृषि सिंचना येवजणे’ खाला 97 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्यो येवजण्यो चालीक लावपाकय मान्यताय मेळ्ळी.

केंद्रीय भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हाणी विधेयकाचेर जाल्ले चर्चेक जाप दितना सांगले कि आगामी 'नीट यूजी समुपदेशन २०२६'च्या तयारीचो नियाळ घेतलो. देशभरात पदवीपूर्व वैजकीय अभ्यासक्रमां खातीर पारदर्शक, गुणवत्तेर आधारित, तंत्रज्ञानाचो वापर आशिली आणि विद्यार्थी-स्नेही प्रवेश प्रक्रिया सुनिश्चित करपा विशी सरकारची बांदीलकाय भलायकी आणि कुटुंब कल्याण मंत्रालयान परत एकदा अधोरेखित केली. बसकेत नड्डा यांनी भर दिलो की समुपदेशन प्रक्रिया पारदर्शक, निष्पक्ष आणि गुणवत्तेर आधारित पद्धतीन राबवची. ताणी अधिकाऱ्यांक निर्देश दिले की, प्रवेश प्रक्रिये वेळार भक्कम तांत्रिक सहाय्य उपलब्ध आसचे.

उत्तम जनजागृती खातीर सरकारी विभाग आणि माध्यम युनिट्समदलो समन्वय अधिक घटमुट करपाक प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरो (पीआयबी), गोवान पणजीत  आंतर माध्यम प्रसिद्धी समन्वय समितीच्या बसकेचे आयोजन केले. पीआयबीची महासंचालक, स्मिता वत्स शर्मा हांणी सरकारी उपक्रमांच्या प्रभावी प्रसारा खातीर केंद्र सरकारचे विभाग, भौशीक क्षेत्रातले उपक्रम (पीएसयू), पीआयबी, CBC सेन्ट्रल बुरो ऑफ कोमुनिकेशन , आकाशवाणी आणि दूरदर्शन हांचेमदी अधिक घट्ट सहकार्य करपाचेर भर दिलो. ताणी चुकीच्या माहितीचो फुडो करपाक पीआयबीच्या तथ्य तपासणी युनिटच्या भूमिकेचेरूय

उजवाड घालो. या बसकेत २१ परस अधिक केंद्र सरकारी विभाग, भौशिक क्षेत्रातले उपक्रम आणि गोवा सरकाराचे अधिकारी वाटेकार जाल्ले

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी फुडल्या महिन्याच्या २ तारखेक 'नशा मुक्त युवा फॉर विकसित भारत संकल्प अभियान' या मोहिमेचो शुभारंभ करतले. ही अंमली पदार्थांच्या व्यसनांआडची १०० सप्तकाची देशव्यापी 'जन-भागीदारी' मोहीम. या मोहिमेचे फुडारपण 'माय भारत' या माचये वरवी करतले ; हे तरणांट्यांक फुडारपण करपाक सक्षम आणि सक्रिय करपी एक ऑनलाइन युवा फुडारी आणि सामाजिक सहभाग माची आसा. जागृती, समुदाय सहभाग आणि सातत्यपूर्ण जनसहभागाक प्रोत्साहन दिवन अंमली पदार्थमुक्त भारत घडवपाच्या सामूहिक राष्ट्रीय कार्यात तरणाटे नागरिकांक एकठाय हाडप हो या उपक्रमाचो उद्देश आसा. .

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य महाराष्ट्र आनी अस्तंत मध्य प्रदेशाचेर व्हड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच ईशान्य भारत, उदेंत मध्य प्रदेश, उदेंत राजस्थान, गुजरात प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, केरळ आनी माहे, कोंकण आनी गोंय, दर्यादेग कर्नाटक, मराठवाडा, पंजाब, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, तेलंगणा, उत्तराखंड आनी विदर्भ हया वाठारांनी आयज व्हड ते खूब व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच दिल्ली, अस्तंत उत्तर प्रदेश, हरियाणा, चंडीगढ, छत्तीसगड, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, आनी लक्षद्वीपाचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण आयज अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर, लक्षद्वीप, महाराष्ट्र, तमिळनाडू पुडुचेरी, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, आंतरीक कर्नाटक, केरळ, माहे, कोंकण आनी गोंय, कराईकल आनी अस्तंत मध्य प्रदेशातल्या कांय सुवातांनी गडगड आनी वीज पडपाची शक्यताय आसा.

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन ते चार दिसांत आसामाच्या कांय वाठारांनी व्हड ते उटणगाराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण 30 जुलय ते 1 ऑगस्ट मेरेन पुराय आसाम, नागालँड आनी अरुणाचल प्रदेशांत गडगडपा वांगडा उटणगाराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा. शेजारच्या अरुणाचल प्रदेश आनी नागालँडांतल्या व्हड पावसाचो परिणाम आसामांच्या शिमेवयल्या धेमाजी, लखीमपूर, चरैदेव, शिवसागर, जोरहाट आनी गोलाघाट ह्या जिल्ह्यांचेर जावपाची शक्यताय आसा. खर पावसाक लागून उदक भरप, हुंवार येवप, येरादारी खंडीत जावप आनी धोक्याच्या वाठारांनी भूंयकांप जावप अशी शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.

ओडिशाच्या जायत्या न्हंयांनी हुंवार आयला आनी राज्यांतल्या जायत्या वाठारांनी हाई अलर्ट परिस्थिती आसा. हवामान खात्यान राज्यभर व्हड ते उटणगाराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. महानादी न्हंयेत उदकाची पातळी वाडिल्ल्यान हुंवार येवपाची शक्यताय आसा, जाल्यार हेर जायत्या न्हंयांचेर उदकाचो दाब वाडत आसा. प्रशासनान मदत कारवाय आनी तयारीचे उपाय चड खर केल्यात. भद्रक जिल्ह्याचेर पावसाचो सगळ्यांत चड परिणाम जाला अशी म्हायती आमच्या खबराकारान दिल्या. धोक्याच्या वाठारांतल्या लोकांक नियुक्त मजत केंद्रांनी वचपाचो उलो अधिकाऱ्यांनी केला.

राष्ट्रकुल खेळांत भारतान पॅरा-एथलेटिक्सांत इतिहास रचलो. दादल्यांच्या 100 मीटर टी47 प्रकाराच्या निमणया सरतित दिलीप महाडू गाविटान भांगरा पदक आनी मोहम्मद बेसिल मोर्सिंगनाकाथ हाणे रुप्या पदक जिखून भारता खातीर इतिहासीक ‘वन-टू’ (पयलो आनी दुसरो क्रमांक) मेळयलो. गॅविटान ‘गेम्स रेकॉर्ड’ आनी ह्या हंगामांतली सगळ्यांत बरी कामगिरी करून 10.71 सेकंदांत पयलें स्थान मेळयलें; जाल्यार बेसिलान 10.83 सेकंदांत सर्तींत दुसरो क्रमांक मेळयलो. इंग्लंडाचो केविन सांतोसान 10.85 सेकंदांट कांस्य

पदक जिखून पदक जैतीवनताच्या वळेरेंत आपली सुवात मेळयली. हीं पदकां भारता खातीर त्या दिसाचीं तिसरी पदकां आशिल्लीं.